*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**मरिना प्रकल्पाचेर 2 नोव्हेंबराक भौशीक सुनावणी**

ता. 22 ऑक्टोबर 2019

गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान उत्तर गोंयांतल्या नावशे वाठारांत ल्हान बोटी, खेळां बोटी, तारवां खातीर पार्किंग आनी मुरगांव पोर्ट ट्रस्टाच्या उदका वाठाराच्या देखभाली खातीर मे. कार्गवाल कंस्ट्रक्शन कंपनी वतीन उबारपाचो आशिल्ल्या नियोजीत मरिना प्रकल्पाचेर पर्यावरणीय भौशीक सुनावणी घेवपाचो निर्णय घेतला.

ही भौशीक सुनावणी ता. 2 नोव्हेंबर 2019 दिसा डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी इंडोर स्टेडिएम, गोंय विद्यापीठ प्रकल्प, ताळगांव हांगा सकाळी 10.30 वरांचेर सुरू जातली आनी सांजेच्या 7.00 वरांचेर सोपतली. पुण, जर उलोवपी कमी आसल्यार निमाण्या उलोवप्याचे उलवप सोपले बरोबर सुनावणी सोपतली.

हे भौशीक सुनावणेत वाटो घेवप्यांची नांवनोंदणी त्याच दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर सुरू जातली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/720

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA